**Panaji National 21st September 2015 8.40am**

- **भारताचे परकीय देशांचेर अवलंबित्व हे ताचे सगळ्यांत व्हडल्या दुस्माना पैकी एक आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां.**
- **फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन देशांतल्यान डाव्या विचारसरणीचो अतिरेक पुरायपणान संपुष्टात येतलो अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां.**
- **नव्या एच-1बी व्हिसा धोरणा संबंदी अमेरिकेन म्हत्वाचें स्पश्टीकरण जारी केलां. हे एक लाख डॉलर शुल्क फकत नव्या अर्जदारांक लागू आसतले आनी "एक वेळ" फारीकणी आसतली.**
- **दुबयंत आयज आशिया कप टी-20 क्रिकेटाच्या सुपर 4 च्या दुसऱ्या मॅचींत भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो.**
- **चीन मास्टर्स बॅडमिंटन सर्तीत आज दादल्यांच्या दोट्टी गटाच्या फायनलींत सात्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी हि भारतीय जोडी खेळतली.**

------------------------------

PM Gujarat

भारताचे परकीय देशांचेर अवलंबित्व हे ताचे सगळ्यांत व्हडल्या दुस्माना पैकी एक आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां. 2047 मेरेन विकसीत भारताचें सपन साकार करपा खातीर देश एक आत्मनिर्भर राष्ट्र म्हूण संवसारा मुखार उबो रावपाचो वेळ आयला अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री काल भावनगरांत ‘समुद्र से समृध्दी’ कार्यावळीत उलयताले.

भारताक दर्यावेली महाशक्त करपाच्या आपल्या सरकारच्या दृष्टिकोना विशी सांगतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, 2047 मेरेन संवसारीक सागरी वेपारांत आपलो वांटो तिप्पट करपाचो देशाचो हेत आसा.संवसारीक शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दी खातीर संवसारांतलो सगळ्यांत चड लोकसंख्या आशिल्लो देश आत्मनिर्भर जावंक जाय अशें तांणी मुखार सांगलें.

शंबर समस्यांचेर एकूच उपाय आसा - आत्मनिर्भर भारताचे निर्माण अशें तांणी सांगलें.

हें ध्येय साध्य करपा खातीर देशाक आव्हानांक तोंड दिवचें पडटलें, परकी देशांचेर आदारून रावप उणें करचें पडटलें आनी खरो आत्मनिर्भरताय दाखोवची पडटली.

ह्या वेळार प्रधानमंत्र्यानि 32,000 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. मोदी हांणी मुंबय आंतरराष्ट्रीय क्रूझ टर्मिनलाचेंय उक्तावण केलें, तेच बरोबर 7,800 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या व्हड सागरी प्रकल्पांचें उक्तावण केलें.

------------------------------

Amit Shah

फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन देशांतल्यान डाव्या विचारसरणीचो अतिरेक पुरायपणान संपुष्टात येतलो अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. खाजगी चॅनलाक दिल्ले मुलाखतींत शाह हाणी  सांगलें की सरकाराच्या यत्नांक लागून फाटल्या दशकांत ईशान्य आनी डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकी प्रभावित वाठारां सयत तीन मुखेल हॉटस्पॉट वाठारांनी हिंसाचाराच्यो घडणुको 75 टक्क्यांनी उण्यो जाल्यांत.

नरेंद्र मोदी सरकाराच्या कामगिरीचो उल्लेख करतना गृहमंत्र्यांनी सांगलें, 11 वर्सां परस उण्या काळांत सरकारान सुमार 60 कोटी लोकांक घरां, वीज, शौचालय, पिवपाचें उदक आनी ५ लाख रुपयांचो भलायकी विमो दिला.

------------------------------

Nirmala GST slabs

माल आनी सेवा कर (जीएसटी) स्लॅबांत नागरिकांच्या फायद्या खातीर सुदारणा केल्या अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलें. त्यो काल तुतीकोरीनच्या कोविलपट्टींत फस्कां आनी फोग उत्पादक संघटनांच्या शताब्दी सुवाळ्यांत उलयताल्यो. सरकार 2047 मेरेन भारताची उदरगत करपाचो दीर्घकालीन ध्येय दवरून वावुरता अशे तांणी सांगले. सोमारा सावन लोकांक दिलासो मेळटलो अशें सीतारामन हांणी सांगलें.375 वस्तूंचे जीएसटी दर उणे केल्ल्यान लोकांक सण मनवपाक मजत जातली अशें तिणें सांगलें.

------------------------------

Goyal US

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल सोमारा शिष्ट मंडळा वांगडाबरोबर अमेरिकेक भेट दितले.मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळा की, परस्पर फायदेशीर व्यापार करार बेगीनात बेगीन पुराय करपाखातीर चर्चा मुखार व्हरपाची शिष्टमंडळाची येवजन आसा. 16 सप्टेंबराक अमेरिकेच्या वेपार प्रतिनिधीच्या कार्यालयांतल्या अधिकाऱ्यांच्या पंगडाच्या भारता भेटी वेळार वेपार कराराच्या

वेगवेगळ्या पैलू विशीं सकारात्मक चर्चा जाली, आनी हे संबंदी यत्न चड खर करपाचें थारायलां अशें मंत्रालयान सांगलें.

------------------------------

US Visa

नव्या एच-1बी व्हिसा धोरणा संबंदी अमेरिकेन म्हत्वाचें स्पश्टीकरण जारी केलां. ह्या धोरणाक लागून तंत्रगिन्यान उद्देगांत गोंदळ आनी हुस्को निर्माण जाला. स्पश्टीकरणांत म्हणलां की ही एक लाख डॉलर शुल्क फकत नव्या अर्जदारांचेर लादतले आनी "एक वेळ" फारीकणी आसतली.

आयज नवे धोरण लागू जावपाच्या कांय वरां आदीं व्हाइट हाऊसाची प्रेस सचीव कॅरोलीन लीविट हांणी काल स्पश्टीकरण जारी केलें. पयलींच एच-1बी व्हिसा आशिल्ल्या आनी सध्या सध्या देशाच्या भायर आशिल्ल्यां कडेन परतून प्रवेश मेळोवपा खातीर एक लाख डॉलर शुल्क घेवचे नात अशें सुश्री लीविटान आपल्या पोस्टांत सांगलें.

------------------------------

GST Helpline

फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांचो एक भाग म्हूण गिरायक वेव्हार खात्यान राष्ट्रीय गिरायक हेल्प लायनीचेर जीएसटी कागाळी निवारण सुविधा सुरू केल्या. सोमारा सावन लागू जावपी सुदारीत जीएसटी दर आनी सुट चालीक लायल्या उपरांत एकीकृत तक्रार निवारण यंत्रणा - INGRAM पोर्टलाचेर गिरायक कागाळींचो निराकरण सुरू केला अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलां. या श्रेणीत ऑटोमोबाईल, बँकिंग, गिरायकपयोगी वस्तू, ई-कॉमर्स, FMCG आणि हेर प्रमुख उप-श्रेणींचो आस्पाव आसा जंय जीएसटी संबंदीत कागाळी नोंद जातली. आतां गिरायकांक टोल फ्री क्रमांक 1915 वा INGRAM पोर्टला वरवीं सतरा भाशांनी आपल्यो कागाळी नोंद करपाक मेळटात अशें मंत्रालयान सांगलां.

------------------------------

Bullet train

अहमदाबाद-मुंबय बुलेट ट्रेनाचो पयलो खंड 2027 मेरेन सुरू जातलो अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगला.नवी मुंबयंत घनसोली आनी शिल्फाटा बोगदे पुराय जाले उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना वैष्णव हाणी बोगद्यांचें बांदकाम बुलेट ट्रेन प्रकल्पा खातीर म्हत्वाचें आशिल्ल्याचे सांगले.

------------------------------

Mohanlal

नामनेचो अभिनेतो, दिग्दर्शक, आनी निर्मातो मोहनलाल हांकां 2023 वर्सा खातीरचो प्रतिश्ठीत दादासाहेब फाल्के पुरस्कार फावो जाला.सोशल मिडिया पोस्टा वरवीं म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान म्हायती दिल्या की दादासाहेब फाल्के पुरस्कार निवड समितीच्या शिफारशी प्रमाण सरकारान भारतीय सिनेमांतल्या तांच्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर मलयालम अभिनेत्याक हो पुरस्कार दिवपाचो निर्णय घेतला.

------------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आज तेलंगणा, अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडले 3 ते 4 दीस आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, झारखंड, ओडिशा, तेलंगणा, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर गडगड आनी जोगला मारून आनी नेटान वारें मारपाची खूब शक्यताय आशिल्याचे हवामान खात्यान सांगला.

------------------------------

Women ODI

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं नवी दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर जाल्ले तिसरे आनी निमाणे वन डे मॅचींत ऑस्ट्रेलियेन भारताक 43 धांवड्यांनी हारयलो. ह्या जैताक लागून ऑस्ट्रेलिया हि माळ 2-1 अशी जिखली.

------------------------------

Cricket

दुबयंत आयज आशिया कप टी-20 क्रिकेटाच्या सुपर 4 च्या दुसऱ्या मॅचींत भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण राती 8 वरांचेर सुरू जातली. सर्तींतली ही दोनूय पंगडां मदली दुसरी मॅच आसतली. काल रातीं जाल्ले सुपर फोरचे पयले मॅचींत बांगलादेशान श्रीलंकेक चार विकेटींनी हारयलो.

------------------------------

Badminton

आयज शेनझेनांत  चीन मास्टर्स बॅडमिंटन सर्तींत दादल्यांच्या दोट्टी गटाच्या फायनलींत  सात्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी हि भारतीय जोडी  दक्षिण कोरियाचे किम वोन हो आनी सिओ सेंग  हांचे आड खेळटलें. काल उपांत्य फेरयेंत भारतीय जोडयेन मलेशियाच्या आरोन चिया आनी सोह वूई यिक हांकां 21-17, 21-14 अशा सेटांनी हारयले.

------------------------------